# गोंय राज्य पत्रकार पुरस्कार जाहीर

ता. 29 ऑक्टोबर 2024

गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान गोंय राज्य पत्रकार पुरस्कार जाहीर केले. राज्य पत्रकार पुरस्कार समितीन पुरस्कार जैतवंतांची निवड केल्या. गोंय सरकार म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन बातमी आनी लेख ह्या प्रकारांत धा पुरस्कार दितात. रोख 25,000/- रूपया, प्रशस्तीपत्र आनी यादस्तीक स्वरूपात हे पुरस्कार दिवपात येता.

राष्ट्रीय एकात्मता आनी सामाजीक सलोखो गटांत उत्कृश्ट संपादक पुरस्कार गोमन्तकचे संपादक श्री. राजू नायक हांका "समता आणि बंधुतेची जिवंत प्रतीके!", ह्या संपादकीय बरपा खातीर फावो जाला. ग्रामीण पत्रकारितेखातीर प्रुडंट मिडियाचे श्री विवेक प्रभू हांका तांच्या "100 year old flour mill at Savoi-verem fighting for existence". ह्या लेखा खातीर पुरस्कार फावो जाला.

भौशीक भलायकी आनी नितळसाण बरपा खातीर प्रुडंट मिडियाचे विक्रम नायक हांका तांच्या "Shocking Alert sancoale Residents catch water supply tanker while transporting sewage" ह्या बरपा खातीर पुरस्कार फावो जाला. बायला, भुरगीं आनी सामाजीक विशयावयल्या बातमी खातीर प्रुडंट मिडियाचे श्री स्वप्निल तारी हांका तांच्या "Disability couldn't disable Sukhada's Ability" ह्या बातमी खातीर फावो जाला. खेळां पत्रकारितेखातीर टाईम्स ऑफ इंडिया चे श्री मार्कुस मर्गुलाव्ह हांका तांच्या 'Siya's Special Journey: From a remote Goa village to winning Olympic Gold' ह्या बातमी खातीर फावो जाला. कला आनी संस्कृती पत्रकारितेखातीर प्रुडंट मिडियाचे शिरीष कुंकळेकर' हांका तांच्या Zagor of Kunkoliem ह्या बातमी खातीर फावो जाला.

उत्कृश्ट छायापत्रकार पुरस्कार ( वर्साचे उत्कृश्ट छायाचित्र) टाईम्स ऑफ इंडिया चे श्री. राजतिलक नाईक हांका फावो जाला. शिक्षणीक पत्रकारितेखातीर टाईम्स ऑफ इंडियाची गौरी मळकर्णेकर हांका "UP,Raj,Odisha to use Goa coding,robotics edu model in pilot project" ह्या बातमी खातीर फावो जाला. सरकारच्या प्रगतीचेर लिखाणाखातीर गोवन वार्ताचे अजय लाड हांकां "कामुर्ली पंचायत बनली ऊर्जेबाबत स्वयंपूर्ण" ह्या बातमी खातीर फावो जाला.

हे पुरस्कार राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस सुवाळ्यात 16 नोव्हेंबर 2024 दिसा भेटोवपात येतले.

प्रो. अंजू साखरदांडे, सहाय्यक प्रो. कुलदीप कामत आनी ज्येश्ट पत्रकार विनायक नाईक हे निवड समितीचे वांगडी आशिल्ले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/591

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa, Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.